Panaji National 4th December 2025 8.40am

रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन 23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर परिशदे खातीर आज भारत भोंवडेर येतात.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आनी रशियाचे संरक्षण मंत्री आंद्रेई बेलौसोव्ह आज नवी दिल्लीत लश्करी आनी लश्करी तंत्रीक सहकार्याचेर भारत-रशिया आंतरसरकारी आयोगाचे 22वे मंत्रिस्तरीय बसकेची सह येजमानकी चलयतले.

लोकसभेन केंद्रीय अबकारी (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 संमत केलां.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत दक्षिण आफ्रिकेन दुसऱ्या एका दिसाच्या मॅचींत, भारताक 4 विकेटींनी हारयलो. माळेंत 1-1 अशी बरोबरी साध्य केली.

Russia – 80

23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर परिशदे खातीर आज रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन भारत भोंवडेर येतात. दोन दिसांच्या भेटी वेळार राष्ट्राध्यक्ष पुतीन नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन उलोवणी करतले. दोनूय फुडारी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक मुद्द्यांचेर विचारांचे आदान-प्रदान करतले. वेपार, अर्थवेवस्था, भलायकी, शिक्षण, संस्कृताय, प्रसार माध्यमां ह्या मळार जायत्यो कबलाती जावपाच्यो अपेक्षा आसा.
राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू रशियाच्या राष्ट्रपतींच्या सन्मानार्थ मेजवानी आयोजित करतल्यो. हे भेटीक लागून भारत आनी रशियेच्या फुडारपणाक द्विपक्षीय संबंदांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेवपाची संद मेळटली आनी खाशेली रणनिती भागीदारी घटमूट जातली.

Rajnath – 55

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आनी रशियाचे संरक्षण मंत्री आंद्रेई बेलौसोव्ह आज नवी दिल्लीत लश्करी आनी लश्करी तंत्रीक सहकार्याचेर भारत-रशिया आंतरसरकारी आयोगाचे 22वे मंत्रिस्तरीय बसकेची सह येजमानकी चलयतले. संरक्षण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां, हे बसकेंत दोनूय फुडारी संरक्षण मळार

दोनूय देशां मदल्या बहुआयामी संबंदांचो नियाळ घेतले. तशेंच परस्पर हिताच्या समकालीन प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांचो आदान-प्रदान करतले.

Scindia – 120

संचार साथी ॲपची वाढती स्वीकृती पळोवन मोबायल फोन निर्मात्यांनी तो प्री-इन्स्टॉल करप सक्तीचें ना अशें सरकारान थारायलां. नागरिकांक जाय तेन्ना ॲप काडून उडोवंक मेळटा आनी वापरकर्त्यांचे संरक्षण करपा व्यतिरिक्त ताचो हेर कसलोच हेतू ना अशें सरकारान स्पश्ट केलां. संचारण मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां की आतां मेरेन 1.4 कोटी वापरप्यांनी हो ॲप डावनलोड केला, आनी दर दिसा 2000 फटवणूकिच्यो घडणुको घडटात. केंद्रीय संचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी काल विरोधी पक्षाचे स्नूपिंगाचे आरोप न्हयकारले आनी संचार साथी ॲपा वरवीं स्नूपिंग शक्य ना आनी घडचेय ना अशें सांगलें. लोकसभेंत एका प्रस्नाक जाप दितना सिंडिया हांणी स्पश्ट केलें की वापरकर्ते आपल्या सोयी प्रमाण नोंदणी करून ॲप्लिकेशन सक्रिय करूंक शकता आनी ताचे फायदे घेवंक शकतात, आनी ते खंयच्याय वेळार तो आपल्या डिव्हायसा वयल्यान निश्क्रीय वा काडून उडोवंक शकतात.

Excise – 110

लोकसभेन केंद्रीय अबकारी (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 संमत केलां. प्रस्तावीत कायद्याचो हेतू केंद्रीय अबकारी कायदो, 1944 त दुरुस्ती करून सिगरेट, सिगार, हुक्का तंबाखू, चाबपाचो तंबाखू, जरदा, सुगंधी तंबाखू ह्या तंबाखू उत्पादनांचेर अबकारी कर आनी सेस वाडोवप हो आसा. विधेयकाचेर जाल्ले भासाभाशेत जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी म्हणलें, हो नवो कायदो न्हय आनी अतिरिक्त कर लेगीत न्हय. तो सेस न्हय तर जीएसटी पयलीं अस्तित्वांत आशिल्लो अबकारी कर अशें तांणी सांगलें.जीएसटी लागू जाले उपरांत लेगीत जुलय 2017 ते 2024 मेरेन भरपाय सेस दरांत बदल जावंक ना अशें तांणी सांगलें.भाजपच्यो डॉ. डी. पुरंदेश्वरी, काँग्रेसचे कार्ती पी. चिदंबरम आणि राष्ट्रवादी काँग्रेसच्यो सुप्रिया सुळे हांचे सयत जायत्या वांगड्यांनी हे चर्चेंत वांटो घेतलो.

Chattisgarh – 60

छत्तीसगडांत काल बीजापूर जिल्हयांत सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकेंत बारा माओवादींक मारले. तशेंच तीन सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक मरण आयले, जाल्यार हेर

दोन जाण जखमी जाल्यात.बीजापूर-दांतेवाडा शिमेचेर माओवाद्यांच्या हाजिरे विशीं विशिश्ट गुप्तचर म्हायती मेळ्या उपरांत दांतेवाडा आनी बीजापूरचो जिल्लो राखीव दल, विशेष कार्य दल, कोब्रा युनिट आनी सीआरपीएफ हांच्या संयुक्त पंगडान वाठारांत सोद कारवाय सुरू केली. ह्या कारवाये वेळार फारपेट सुरू जाली.

Nadda – 90

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी क्षयरोग (टीबी) निर्मूलनात देशाच्या प्रगतीचे कौतुक केला. 2015 ते 2024 ह्या काळांत क्षयरोगाचे दुयेंती 21 टक्क्यांनी उणे जाल्यात अशें तांणी सांगलें, जें संवसारीक प्रमाणा परस जवळजवळ दोबराद आसा. टीबी मुक्त भारता संबंदी काल नवी दिल्लींत महाराष्ट्र खासदारां कडेन जाल्ले बसकेंत नड्डा हांणी क्षयरोग मुक्त अभियानात महाराष्ट्र आघाडीचेर आशिल्ल्या खातीर महाराष्ट्राची तोखणाय केली.सरकाराच्या थेट फायदो हस्तांतरणाक लागून दुयेंतींक दिसपट्ट्यो पोशण आनी हेर गरजो भागोवपाक मदत जाता अशें तांणी सांगलें. क्षयरोग निर्मूलनाच्या भारताच्या मोहिमेत लोकांचो सहभाग हो केंद्रस्थानी आसा, हाचो पुनरुच्चार तांणी केलो.

Vaishnaw – 55

फेक न्यूज लोकशायेखातीर धोको आसा अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. सोशल मिडिया, फेक न्यूज आनी एआय-जनरेटेड डीप फेकांचेर खर कारवाय करपाची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो. काल लोकसभेंत प्रश्नोत्तरा वेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना वैष्णव हांणी सांगलें, एआय-जनरेटेड डीप फेक वळखुन ताचेर कारवाय करपा खातीर नवो नेमाचो मसुदो उजवाडाक आयला. Byte – 27

Jaishankar – 70

फाटल्या तीन वर्सांत सरकारान मदद पोर्टला वरवीं सुमार 1 लाख 38 हजार कागाळीचें निवारण केला अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी सांगले. नवी दिल्लींत जाल्ल्या भारतीय संवसारीक वर्सुकी परिशदेंत उलयतना डॉ.जयशंकर हांणी सांगलें, भारतीय समुदाय कल्याण निधी खातीर एकठांय केल्ल्या पासपोर्ट सेसाचो सुमार 2 लाख 38 हजार लोकांक फायदो जाला. भारतांत पासपोर्ट मेळोवप हें आतां पयलीं आशिल्लें तशे आव्हान उरूंक ना अशें तांणी

स्पश्ट केलें. आतां देशभरांतल्या 500 परस चड सुवातींनी लोकांक पासपोर्ट मेळूंक शकतात. Byte – 20

RBI – 60

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या चलन धोरण समितीची तीन दिसांची बसका काल मुंबयंत सुरू जाली आनी केंद्रीय बँकेच्या ताज्या धोरणात्मक नियाळाची सुरवात जाली. शुक्रारा आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा चलनविषयक चर्चेचे निकाल जाहीर करतले. आरबीआयन अंदूं फेब्रुवारींत व्याजदर उणे करपाक सुरवात केली आनी ऑगस्टांत व्याजदर उणे करचे पयलीं तीन टप्प्यांनी रेपो दर 100 बेसिस पॉयंटसान उणो करून 5.5 टक्के केलो.

Navy – 45

आयज नौदल दीस. भारतीय नौदलाच्या कामगिरी आनी भुमिकेचो भोवमान करपा खातीर दर वर्सा 4 डिसेंबराक हो दीस मनयतात. १९७१ वर्सा ह्या दिसा ऑपरेशन ट्रायडंट वेळार भारतीय नौदलान पीएनएस खैबर सयत चार पाकिस्तानी जहाजा बुडयलीं.

अंदूं केरळांतल्या तिरुवनंतपुरम हांगाच्या शनमुगम दर्यादेगेर भव्य प्रदर्शना वरवीं नौदल दीस मनयतात.

IMD – 35

आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईक्कलात आज घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. दक्षिण अंतर्गत कर्नाटकांतल्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.
हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब, राजस्थाननात कुडकुडयाचे शि पडता.

Cricket – 80

दादल्यांच्या क्रिकेटांत दक्षिण आफ्रिकेन तीन एका दिसाच्या मॅचींच्या माळेच्या दुसऱ्या खेळांत, काल रातीं रायपूरांत भारताक 4 विकेटींनी हारयलो. 359 धांवड्यांच्या लक्ष्याक जाप दितना दक्षिण आफ्रिकेन चार बॉल उरिल्ले आसतना स विकेट व्हगडावन 362 धांवड्यो करून मॅच जिखली. एडन मार्कराम हाणें सगळ्यांत चड 110 धांवड्यो केल्यो. भारता खातीर अर्शदीप सिंग आनी प्रसिध्द कृष्णान दरेकीं 2 विकेटी घेतल्यो.

ह्या जैताक लागून तीन एका दिसाच्या मॅचींच्या  माळेंत आतां 1-1 अशी बरोबरी साध्य जाल्या. तिसरी आनी निमाणी मॅच ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक विशाखापत्तनमांत जातली.